**लोकशाय वेवस्थे मुखार निर्माण जावपी आव्हानांक फुडो करपाक अभिरूप न्यायालय उपयुक्त -श्री. सिक्वेरा**

ता. 27 फेब्रुवारी 2025

अभिरूप न्यायालया (मुट कोर्ट) फाटली भावना खूप म्हत्वाची आसा, कारण ती सहभागी जावपी विद्यार्थ्यांक एडव्होकेसी कुशळटाय, संशोधन, निर्णय लेखन वा धोरण तयार करपाची कुशळटाय विकसित करपाची संद दिता, जाका लागून येणाऱ्या काळात आमच्या लोकशाय वेवस्थे मुखार निर्माण जावपी आव्हानांक फुडो करपाक मजत जातली, अशें कायदो आनी न्याय मंत्री श्री. आलेक्स सेक्वेरा हांणी आयज दोनापावला हांगा भारतीय संविधान अमलांत आयिल्ल्याच्या 75 व्या वर्सा निमतान पर्रिकर नॅशनल मुट कोर्ट आनी पॉलिसी हॅकेथॉनच्या दुसऱ्या आवृत्तीचे उक्तावण केल्या उपरांत मुखेल सोयरे म्हूण उलयतना सांगलें.

गोंय विद्यापीठाच्या मनोहर पर्रिकर स्कूल ऑफ लॉ, गव्हर्नन्स अँड पब्लिक पॉलिसी हांणी उच्च शिक्षण संचालनालय आनी गोवा मानवाधिकार आयोगाच्या सहकार्याने ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. ह्या कार्यक्रमात देशभरांतल्यान सुमार 40 संघांनी वाटो घेतला.

फुडें उलयतना मंत्र्यान आमचें संविधान अमलांत आयिल्ल्याचें 75 वे वर्स मनयतनाच आमी राष्ट्रीय मूट कोर्ट सारखे कार्यक्रम आयोजीत करून संवसारांतली सगळ्यात व्हड लोकशाय मजबूत करपाक स्वता समर्पित जावपाचो उलो मारलो. जे संविधान न्याय, स्वातंत्र्य, समानताय आनी आणि बंधुत्वाप्रती भारताच्या वचनबद्धतेचे प्रतीक आसा. अनेक आव्हानांक तोंड दिवन लेगीत आमचें संविधान घटमूट आसा, अशें तांणी सांगलें. काळाच्या कसोटीवर टिकून राहिले आहे, असेही ते म्हणाले.

लोकशाय संस्थां आनी प्रादेशीकता मजबूत करप, न्यायाची उपलब्धता वाडोवप आनी देशातल्या सगळ्या नागरिकांक अर्थीक उदरगतीचो लाव मेळचो हाची खात्री करपा खातीर लोकांनो संविधानाचे राखणदार जावपाचोय तांणी उलो मारलो.

गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू प्रा. हरिलाल मेनन हांणी आमचे संविधान हे न्हय फकत एक कायदेशीर दस्तावेज जाल्यार आमच्या लोकशाय वेवस्थेचो आत्मो आसून ते न्याय, स्वातंत्र्य, समानताय आनी बंधुत्वाच्या मूल्यांचे प्रतीक आशिल्ल्याचें सांगलें.

ह्या कार्यक्रमाक बिट्स पिलानी गोवा कॅम्पसाचे प्राध्यापक देबासिस पटनायक, नागरी विमान येरादारी संचालक (निवृत्त), डॉ. सुरेश शानभोग (निवृत्त), इतिहासकार श्री संजीव सरदेसाय आनी विद्यार्थी, शिक्षक उपस्थित आशिल्लें.

प्रोफेसर राजेंद्र एस. गाड हांणी येवकाराचे उलवप केले. डॉ. अलकनंदा श्रृंगारे हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/185

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.